निमेसुलायड वखदाचेर बंदी

ता. 8 जानेवारी 2026

केंद्र सरकारान 100 मिलीग्रामा परस चड निमेसुलायडचो आस्पाव आशिल्ल्या सगळ्यां ओरल फ़ॉर्मूलेशन वखदांचे उत्पादन, विक्री वा वितरण करपाचेर वखदां आनी कॉस्मेटीक्स कायदो 1940 खाला बंदी घातल्या, अशी म्हायती अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान दिल्या. निमेसुलायड वखदांचो वापर मनशाक धोक्याचो थारूक शकता आनी ह्या वखदांक सुरक्षीत पर्याय उपलब्ध आसा. वखदां तांत्रिक सल्लागार मंडळाच्या शिफारसी प्रमाण ही बंदी घातल्या.

त्या खातीर राज्यांतले सगळें वखदां विक्रेते, उत्पादक, हॉस्पिटल्स, दवाखाने, दोतोरांनी ह्या बंदीची नोंद घेवन निमेसुलायड वखदांची विक्री आनी वापर बंद करचो. विक्रेत्यां कडेन निमेसुलायड वखदांचो स्टॉक आसल्यार तो उत्पादकाक परत करचो, अशें अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान कळीत केला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/32

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.